राजश्री कामत राष्ट्रीय खबरो ०८.10.२०२५ @6.30 pm

**<u>मोदी</u>**

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी आज नवी दिल्लीतल्या यशोभूमी हांगा आशियातल्या सगळ्यात व्हड दूरसंचार, मीडिया आणि तंत्रज्ञान कार्यक्रम आशिल्या इंडिया मोबाइल कॉंग्रेस २०२५ च्या नवव्या आवृत्तीचे उद्‌घाटन केले. या मेळाव्यात उलयताना मोदी हांणी म्हणाले की, दूरसंचार क्षेत्रात देशाचे यश आत्मनिर्भर भारताच्या दृष्टिकोनाचे बळ दर्शयता.

एकेकाळार २G च्या अडचणींचो फुडो करपी देशाक आता लागीलागी प्रत्येक जिल्ह्यात ५G कव्हरेज आसा अशेय मोदी हानी म्हणले byte ४ जी

यावेळार उलयताना दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हाणी म्हणाले की, भारत आता जगाचो डिजिटल ध्वजवाहक जाला ,देशाची दूरसंचार क्रांती चार डी'वर आधारित आसा लोकशाय, लोकसंख्या शास्त्र, डिजिटल पयली आणि वितरण अशे ताणी म्हणले

**<u>शहा</u>**

गृहमंत्री अमित शहा यांनी आज चौथे शीख गुरु,गुरु रामदासच्या प्रकाश पर्वानिमित्त देशवासीयांक शुभेच्छा दिल्या. धर्म, संस्कृती आणि मानवतेक समर्पित गुरु रामदासांची जीण आणि तत्वज्ञान सगळ्यां खातीर अनुकरणीय आशिल्याचे मंत्र्यान म्हणले.

**<u>वेचणूक</u>**

एका वरात कागाळींचे जलद निवारण जावचे हे खातीर वेचणूक आयोगान बिहारात ८२४ फ्लाइंग स्क्वॉड्स तैनात केल्यात . १९५० या कॉल सेंटर क्रमांका सयत

कागाळ देखरेख प्रणालीय स्थापन केल्या, जातुन जनता वा राजकीय पक्षत कागाळी दाखल करू शकतात. आयोगान आज बिहार वेचणुकां खातीर आदर्श आचारसंहितेची काटेकोरपणान अंमलबजावणी करपाचे निर्देश जारी केले.

**<u>दहशत</u>**

राजौरी जिल्ह्यात धार साखरी गावात काल पोलिस आणि दहशतवाद्यांमदी जाल्या चकमकी उपरांत दहशतवादविरोधी मोहीम अजूनय सुरू आसा. अधिकाऱ्यांच्या म्हणण्या प्रमाण, दहशतवादी आणि सुरक्षा दलांम दी जाल्या फारपेटीत कसलीच जीवितहानी जाल्याची खबर ना संशयित व्यक्तींच्या हालचालींची माहिती मेळल्या उपरांत पोलिसांनी शोध मोहीम सुरू केली तेन्ना ही फारपेट जाली

**<u>अनिता</u>**

कॅनडाची परराष्ट्र मंत्री अनिता आनंद फुडल्या सप्तकात भारत दौऱ्यार येतली. हो तांचो पयलो अधिकृत दौरा आसा. भारत आणि कॅनडामधले द्विपक्षीय संबंध परत स्थापित करपाक सुरू आशिल्या प्रयत्नां वेळार हो दौरा जाता. फाटल्या महिन्यात न्यू यॉर्कत संयुक्त राष्ट्रांच्या महासभेच्या वेळार परराष्ट्र मंत्री डॉ. जयशंकर त्यांच्या कॅनेडियन सम पदस्थांक मेळील्ले

**<u>स्टोक</u>**

आज दनपारच्या व्यवहारात बेंचमार्क देशांतर्गत शेअर बाजारात सेन्सेक्स आणि निफ्टी हे निर्देशांक सकारात्मक झाले आणि किरकोळ वाढ झाली. निमणो अहवाल आयलो तेन्ना सेन्सेक्स ९३ अंकांनी वाढून ८२ हजार २० र पावलो आणि निफ्टी नऊ अंकांनी मात्सो वाढून २५ हजार ११७ र पावलो

**अपघात**

आंध्र प्रदेशांतल्या कोनासीमा जिल्ह्यांत जाल्ल्या अपघातांत जाल्या जीवितहानीबद्दल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दुख्ख उक्तायला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी जखमी लोकांक बेगीन बरे जावपाची प्रार्थना केल्या. हया कठीण काळांत आपले विचार पीडित आनी तांच्या कुटुंबा कडेन आसात अशें तांणी म्हणला

**स्पोर्ट्स**

गोंयांतल्या मुखेल फुटबॉल क्लबामदी आसपावपी चर्चिल ब्रदर्स फुटबॉल क्लबाची सीईओ वालंका आलेमाव हांची फिफाच्या संवसारिक बायलां फुटबॉल उदरगत समितीची वांगडी म्हणून निवड जाल्या.

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 **oct** आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

**IMD**

भारतीय हवामान खात्यान आज ईशान्येकडची राज्य, मध्य महाराष्ट्र, कर्नाटक, केरळ, कोकण, गोवा, हांगा घोग्यांनी पाऊस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.